**Akashvani Panaji National bulletin 8.40 am 28th dec 2025**

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशातल्य तशेच विदेशातल्या भारतीय लोक मुखार आपले विचार मान्दतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात’ कार्यावळीचो हो 129वो वाटो आसा . हि कार्यावळ आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय air न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएनएअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलाचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें. आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी हि कार्यावळ प्रसारीत जातली.

------------------------------------------------

PRESIDENT

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज उत्तर कर्नाटकांतल्या कारवारांतल्या आयएनएस कदंबा नौदल तळाक भेट दितात. त्यो गोयांतल्यान कारवार नौदल तळांत उड्डाण करतल्यो आनी थंय कर्नाटकाचे राज्यपाल थावरचंद गहलोत आनी राज्यमंत्री तांका येवकार दितले. 2006 वर्सा विशाखापट्टणम हांगा नौदलाच्या पाणबुडींत भोंवडी करपी DR ए पी जे अब्दुल कलामा उपरांत पाणबुडी भोंवडी करपी राष्ट्रपती मुर्मू दुसरयो राष्ट्रपती जातली. राष्ट्रपतीची भेट थळाव्या अधिकाऱ्यांनी सुरक्षा उपाय येवजण्यो चालीक लायल्यात.

------------------------------------------------

PM DELHI

प्रधानमंत्री मोदी आयज नवी दिल्लींत मुखेल सचीवांच्या पांचव्या राश्ट्रीय परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. काल बसकेचे अध्यक्षपद तांणी केल्लें. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत परिशदे वेळार शासन आनी सुदारणां संबंदीत वेगवेगळ्या विशयांचेर आपूण अंतर्दृष्टीपूर्ण चर्चा केली अशें सांगलें. शुक्रारा सुरू जाल्ल्या तीन दिसांच्या परिशदेचो हेतू राष्ट्रीय उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर संरचीत आनी शाश्वत संवादांतल्यान केंद्र-राज्य भागीदारी घटमूट करपाचो आसा. राज्यांक आनी केंद्रीय प्रदेशांनी पाळपाक जाय आशिल्लीं उत्तम पद्दती आनी रणनिती आस्पावपी विकसित  भारता खातीर मनीस भांडवल’ ह्या विशयाचेर बसकेंत भर दिला.

------------------------------------------------

SHAH

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज अहमदाबादांत इंडियन मेडिकल असोसिएशनान आयोजीत केल्ल्या IMA Netcon 2025 सर्तींत वांटो घेतले.उपरांत अहमदाबाद पालिका म्हामंडळान बांदिल्ल्या निचरा नळमार्ग आनी एसजी हायवे पायलट प्रकल्पाच्या पयल्या पांवड्याचे उक्तावण करतले , ते भायर नावा वंजराच्या बाधित कुटुंबाक सनद सादर करतले. ते उपरांत मंत्री  शाह गुरू गोविंद धामाक भेट दितले  आनी विश्व उमीया फावंडेशनान आयोजीत केल्ल्या युवा बिझनेस महासमेलन 2025 च्या उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर रावतले . सांजवेळार मणिपूरांतल्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या जिविताचेर आदारिल्ल्या नमोत्सवाक सांस्कृतीक कार्यावळीक ते हाजीर रावपाचे आसात.

-----------------------------------------------

SONOWAL

सरकारान 44,700 कोटी रुपयांच्या खर्चाच्या दोन मुखेल जहाज बांदपाच्या उपक्रमां खातीर कार्यकारी मार्गदर्शक तत्वां अधिसुचोवणी दिल्यांत,तातूंत -जहाज बांदकाम अर्थीक मजत येवजण आनी जहाज बांदकाम उदरगत येवजण हे दोन उपक्रम आसात. बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी , ह्या मार्गदर्शक तत्वांनी एक स्थिर आनी पारदर्शक चौकटी तयार केल्या, जी देशी जहाज बांदकाम परतून जिवीत करतली अशे पाणी सांगला . हाका लागून व्हड प्रमाणांत गुंतवणूक करपाक मेळटली आनी संवसारीक दर्ज्याची क्षमता तयार जातली, जाका लागून भारताक विकसित भारत आनी आत्मनिर्भर भारताच्या मार्गाचेर एक मुखेल दर्यावेल्या राष्ट्राची सुवात मेळटली. दोनूय येवजण्यो 31 मार्च 2036 मेरेन वैध उरतली. वट्ट 24 हजार 736 कोटी रुपया आशिल्ल्या जहाज बांदकाम अर्थीक मजत येवजणे खाला सरकार जहाजाच्या वर्गा प्रमाण दर जहाजाक 15 टक्क्यां ते 25 टक्क्यां मेरेन अर्थीक मजत दितलें. हे येवजणेंत ल्हान सामान्य, व्हड आनी खाशेल्या जहाजांक आदार सुरू केला. जहाज बांदपाच्या उपक्रमांचें समन्वयात्मक नियोजन आनी अंमलबजावणी सुनिश्चीत करपा खातीर राष्ट्रीय जहाज बांदकाम मिशन स्थापन करपाची तरतूद येवजणेंत आसा. 19 हजार 989 कोटी रुपयांचो अर्थसंकल्पीय खर्च आशिल्ली जहाज बांदकाम उदरगत येवजण दीर्घकालीन क्षमता निर्माण करपाचेर भर दिता. हे येवजणेंत ग्रीनफील्ड शिपबिल्डिंग क्लस्टरांची उदरगत, सद्याच्या ब्राउनफील्ड शिपयार्डांचें आधुनिकीकरण, संशोधन, डिझायन, नवनिर्माण आनी कुशळटाय

विकासाक आदार दिवपाखातीर भारतीय दर्यावेल्या विद्यापिठाखाला भारत जहाज तंत्रज्ञान केंद्र स्थापन करपाची तरतूद आसा.

---------------------------------------------------

RUSSIA

रशिया आनी युक्रेन हांचे मदीं तणाव वाडला आनी ह्या वाठारांत शांततायेची दलाली करपाचे अमेरिकेचे यत्न चालू आशिल्ल्यान युक्रेनचो राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की आयज फ्लोरिडाक अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांची भेट घेतले . शांतताय येवजण आनी अमेरिकेची संभाव्य सुरक्षा हमी हांचेर चर्चा जातली . युक्रेनाचे समृध्दी खातीर दीर्घकालीन नकासो तयार करपाक आपलें प्रशासन वॉशिंग्टन वांगडा काम करता अशें झेलेन्स्की हांणी नदरेक हाडलें. फाटल्या सप्तकांत काल कीव हांगा जाल्ल्या हवाई हल्ल्या मजगती ताची ही भेट जाल्या, जातूंत उण्यांत उणे दोन जाणांक मरण आयलें आनी शाराच्या व्हड वाठारांनी वीज पुरवण खंडीत जाल्या. काल कॅनडाच्या हॅलिफॅक्सांत फ्लोरिडाक वचपाच्या वाटेर थांबतना झेलेन्स्की हांणी कॅनडाचे प्रधानमंत्री मार्क कार्नीची भेट घेतली. हे बसकेंत कार्नीन युक्रेनाक 1.82 अब्ज अमेरिकन डॉलर अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा केली.

---------------------------------------------------

CHOUHAN

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काँग्रेसीचेर टीका करून पक्षान राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो 2005 त महात्मा गांधीचें नांव फकत वेंचणुकेच्या फायद्या खातीर आस्पावलां असो आरोप केलो. काल भोपाळांत पत्रकारां कडेन उलयतना मंत्री चौहान

हांणी , काँग्रेस सरकाराच्या काळांत मनरेगा, भ्रश्टाचाराचो पर्याय जालो अशे सांगलें . काँग्रेस पक्षान मनरेगाचें अर्थसंकल्प उणें केलां अशें तांणी सांगलें. विरोधकांनी वेंचणुकेंतल्या फायद्या खातीर महात्मा गांधीचें नांव सातत्यान वापरलां असो आरोप तांणी केला.

विकसित भारत: जी रॅम जी येवजणे खाला आतां दिल्लींत न्हय, तर गांव पातळेचेर निर्णय घेवचे अशें मंत्रीमंडळान सांगलें. ग्राम पंचायती एकठांय बसून स्वताची उदरगत येवजण तयार करतली. कामाच्या दिसांचो आंकडो 100 दिसां वयल्यान 125 दिसां मेरेन वाडयला हाचेर तांणी भर दिलो.

------------------------------------------------

TAIWAN

तैवानांत काल रातीं ईशान्य दर्यादेगेवेल्या यिलान शाराच्या सुमार 32 वाठारांनी 7.0 तीव्रतेचो भूंयकांप जाल्ल्याचें जुंव्यावयल्या हवामान प्रशासनान सांगलां. रोखडेंच व्हडलेंशें लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळूंक ना. 73 KM खोलायेचो भूंयकांप देशभरांत जाणवलें . टाईपी शाराच्या सरकारच्या म्हणण्या प्रमाण व्हडलेंशें लुकसान नोंद जाऊंक ना

------------------------------------------------

ARAVALI

हालींच्या काळांत अरवल्ली दोंगुल्ल्यांच्या व्याख्येंत बदल जाल्ल्यान निर्माण जाल्ल्या हुस्क्याची सर्वोच्च न्यायालयान सुओ मोटू लक्षांत घेतल्या. भारताचे मुखेल न्यायाधीश सूर्यकांत, न्यायाधीश जे. महेश्वरी आनी ए.जी.मसीह, फाल्यां ह्या प्रस्नाची तपासणी करपाची आसा.

अरवल्ली दोंगुल्ल्यांची नवी व्याख्या करपा विशीं भौशीक निशेध आनी खर हरकती उपरांत सर्वोच्च न्यायालयान हस्तक्षेप केला. मान्य व्याख्येखाला अरवल्ली दोंगुल्ल्यांनी उण्यांत उणी उंचायेचेर आशिल्ल्या विशिश्ट जिल्ह्यांतल्या खंयच्याय भूंयरुपाचो आस्पाव जाता, तशेंच आदार दिवपी जोडिल्ले भूंयरुप हांचो आस्पाव जाता.

ह्या वाठारांतल्या खण आनी बांदकाम कार्यावळींक कायदेशीरपण मेळूं येता, जाका लागून नाजूक पर्यावरण यंत्रणेक अपरिवर्तनीय नुकसान जावंक शकता अशी शिटकावणी पर्यावरण संघटना आनी नागरी समाज गटांनी दिल्या. दिल्ली, हरियाणा, राजस्थान आनी गुजरात ह्या वाठारांतल्या अरवल्ली दोंगुल्ल्यो हांचे व्याख्येंत बऱ्याच काळासावन आशिल्ल्या विसंगतींक लागून हो वाद निर्माण जाला, जाका लागून हाचे पयलीं नियामक अंतर निर्माण जाल्लें आनी बेकायदेशीर खणकाम शक्य जालें.

---------------------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशात दाट धुकें पातळपाचो असो अदमास उक्तायला .बिहार, उदेंत मध्य प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीर, लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान आनी मुजफ्फरबाद हांगा धुकें पडटलें. तशेंच हवामान खात्यान ओडिशा, सिक्किम, उत्तराखंड, हिमालय अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य भारतात अशीच परिस्थिती आसतली असो अदमास उक्तायला .

---------------------------------------------

SPORTS

बायलां क्रिकेटांत आयज केरळांतल्या तिरुवनंतपुरम हांगा ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर भारताची चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत श्रीलंका पंगडा आड भारताची मॅच जातली. आयज सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

-----------------------------------------------